राष्ट्रीय खबरो 01.04.2025 @ 8.40 am

1 प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत चिलीचे अध्यक्ष गॅब्रिएल बोरीक फॉन्ट बोरिक हांचे कडेन चर्चा करतले. तशेंच बोरीक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांचीय भेट घेतले.

2 भारतीय रिझर्व्ह बँक आरबीआयच्या 90व्या वर्साच्या समारोप सुवाळ्याक आयज मुंबयत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाजीर रावतली

3 देशांतल्या वायु प्रदुशणाचो धोको उणो करपा खातीर इलेक्ट्रीक वाहनां हो सगळ्यांत बरो पर्याय अशें केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी नागरी उड्डाण मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलां.

4 केंद्र सरकाराच्या कर्मचाऱ्यां खातीर युनिफाइड पेन्शन स्कीम (UPS) मंगळारा सावन लागू जातली.

5 आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत काल रातीं मुंबय इंडियन्सान कोलकाता नाइट रायडर्साक 8 विकेटींनी हारयले.

6 बिहारांतल्या राजगीरांत अंदू ऑगस्टांत हीरो आशिया कप हॉकी 2025 चे आयोजन करतले.

मोदी 95

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत चिलीचे अध्यक्ष गॅब्रिएल बोरीक फॉन्ट बोरिक हांचे कडेन चर्चा करतले. तशेंच बोरीक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांचीय भेट घेतले. राष्टपटी तांच्या सन्मानार्थ मेजवानी दितली. चिलीचे अध्यक्ष आयज सावन पांच दिसांच्या भारत भोंवडेर आसा. ताचे वांगडा भारत-चिली संस्कृतीक संबंदांत वांटो घेवपी मंत्री, संसदेचे वांगडी, वेवसायीक संघटना आनी नामनेचे चिलीचे लोक हांचे उच्च पांवड्यावेले शिश्टमंडळ आसा. राष्ट्रध्याक्ष म्हूण बोरीक हांची

ही पयलीच  भारत भेट. तशेंच 5 एप्रीलाक चिलींत परत वचचे पयलीं तो आगरा, मुंबय आनी बेंगळुरूक भेट दितले.मुंबय आनी बेंगळुरूंत ते  राजकी फुडारपण, वेवसाय आनी उद्देग प्रतिनिधी, स्टार्टअप, नवनिर्माण करपी, आनी तंत्रज्ञान फुडाऱ्यांक मेळटले

आरबीआय 60

भारतीय रिझर्व्ह बँक आरबीआयच्या 90व्या वर्साच्या समारोप सुवाळ्याक आयज मुंबयत राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू हाजीर रावतली. केंद्रीय मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया, महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस आनी हेर मानेस्त हे कार्यावळीक हाजीर रावपाचे आसात. आरबीआयचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा येवकार उलोवप  करतले. राष्ट्रपती  मुर्मू काल सांजवेळा दोन दिसांच्या भोंवडेर मुंबय पावली . तांकां विमानतळार राज्यपाल सी पी राधाकृष्णन आनी उपमुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे हांणी येवकार दिलो.

सोरो  65

मध्य प्रदेशांत उज्जैन, ओंकारेश्वर, महेश्वर, मैहार यासारख्या वेचीक  ग्रामपंचायतीं खाला येवपी 19 धर्मीक शारांनी आनी वाठारांनी आयच्यान सोरो बंदी लागू जाता. उज्जैन, ओंकारेश्वर, महेश्वर, मंडळेश्वर, ओरछा, मैहार, चित्रकूट, दतिया, पन्ना, मंडला, मुलताई, मंदसौर आनी अमरकंटक ह्या शारी मर्यादेंतली सगळी सोऱ्याचीं दुकानां आनी बार बंद उरतलीं अशें एका सरकारी अधिकाऱ्यान सांगला.  भाजपा सरकारान ह्या 19 शारी आनी गांवगिऱ्या वाठारांक पुरायपणान पवित्र जाहीर करून तांच्या शिमे भितर पुराय दारूबंदी घाल्या.

गडकरी 90

देशांतल्या वायु प्रदुशणाचो धोको उणो करपा खातीर इलेक्ट्रीक वाहनां हो सगळ्यांत बरो पर्याय अशें केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी नागरी उड्डाण मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलां. गडकरी हांणी महाराष्ट्रांतल्या ठाणे शारांत श्रीकांत बापट हांच्या लॅब

इंडियाच्या माध्यमातलयान  लॅब इंडिया वरवीं ई-सायकलीचें उक्तावण केलें. देशांत वायु प्रदुशण हो एक व्हड प्रस्न आसा पूण ही समस्या ना करपाची जापसालदारकी केंद्र सरकारान घेतल्या अशें गडकरी हांणी सांगलें. तशेंच 2030 मेरेन भारत इलेक्ट्रीक वाहनांचो सगळ्यांत चड उत्पादन करपी देश जातलो असोय विस्वास ताणी उक्तायलो आनी फुडल्या काळांत पेट्रोल, डिझेल आनी इलेक्ट्रीक गाडयांचे दर तशेच उरतले अशें तांणी सांगलें.

ब्रह्मा 65

ऑपरेशन ब्रह्मा खाला आयएनएस सातपुरा आनी आयएनएस सावित्री हांणी व्हाउन व्हेले 50 टन मानवतावादी मजत आनी आपत्ती निवारण (एचएडीआर) साहित्य काल यांगूनात म्यानमार अधिकाऱ्यांकडे सुपूर्द केले. म्यानमारांतले भारतीय राजदूत अभय ठाकुर हांणी मदत साहित्य दिले. भारतीय वायुसेनेचीं स विमानां आनी भारतीय नौदलाचीं पांच तारवां सयत भारताची व्हड प्रमाणांतली  पयली  प्रतिसाद दिवपी  मजत यांगून,  नायपिताव आनी मंडाले हांगा पावयल्या अशें यांगूनातल्या भारतीय दूतावासान सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलां.

Shah 75

दिल्ली-एनसीआरांत व्हड नार्को-नेटवर्कचो पर्दाफाश जाला अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलें. नार्कोटिक्स कंट्रोल ब्युरो-एनसीबी आनी दिल्ली पुलिसांनी ह्या गटाक धरून मेथॅम फेटा माइन, एम डी एम ए आनी 27 कोटी रुपयां परस चड मोलाचें कोकेन जप्त केलां अशे सोशल मिडियाचेर शाहा हाणी सांगलां. तशेंच ह्या पंगडान पांच जाणांक अटक केल्या. ह्या व्हड यशा खातीर शाहा एनसीबी आनी दिल्ली पुलिसांची तोखणाय केली. नरेंद्र मोदी सरकारान ड्रग्सा ड्रग्जआड शून्य सहिश्णुताय आपणायिल्ल्यान ड्रग्स वेपारा आड सरकाराचो अथक यत्न चालूच आसा अशें तांणी सांगलें.

Pension 170

केंद्र सरकाराच्या कर्मचाऱ्यां खातीर युनिफाइड पेन्शन स्कीम (UPS) मंगळारा सावन लागू जातली. केंद्र सरकारान राष्ट्रीय पेन्शन वेवस्थे खाला पर्याय म्हूण यूपीएस सुरू केला. पेन्शन फंड रेग्युलेटरी आनी डेव्हलपमेंट ॲथॉरिटी (PFRDA) न हालींच यूपीएस चालीक लावपा खातीर नियमावली अधिसूचित केल्या. हे नेम केंद्र सरकाराच्या कर्मचाऱ्यांच्या तीन गटांकडेन संबंदीत आसात. पयल्या वर्गांत 1 एप्रिल 2025 दिसा सेवेत असलेल्या सद्याचे केंद्र सरकाराचे कर्मचारी आसतात, जे एनपीएस खाला आस्पावतात, जाल्यार दुसर्या वर्गांत केंद्र सरकार सेवेंत नव्यान भरती केल्ले कर्मचारी आसतात, जे 1 एप्रिल 2025 दिसा वा ताचे उपरांत सेवेंत येतात.तिसऱ्या वर्गांत केंद्र सरकाराचे कर्मचारी आसतात जे एनपीएसचो भाग आसात आनी ह्या म्हयन्याच्या 31 तारखेक वा ताचे आदीं निवृत्त जाल्यात, जे नियमित निवृत्ती आणि स्वेच्छानिवृत्ती उपरांतूय UPS खातीर पात्र आसात. ही येवजण 1 जानेवारी 2004 दिसा वा ताचे उपरांत सेवेंत भरती जाल्ल्या सरकारी कर्मचाऱ्यां खातीर, तशेंच फुडाराक प्रवेश घेवपी कर्मचाऱ्यां खातीर उक्ती आसा. तातूंत एनपीएसांतल्यान यूपीएसांत वचपाचो पर्याय आसा. केंद्र सरकाराच्या कर्मचाऱ्यां खातीर नव्या पेन्शन चौकटी खातीर नोंदणी करपा खातीर पात्र कर्मचाऱ्यांनी 1 एप्रील सावन प्रोटीन सीआरए पोर्टला वरवीं आपली नोंदणी आनी दावो फॉर्म ऑनलायन सादर करूंक येता.

Nirmala 100

अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण फाल्यां नवी दिल्लींत नीती NCAER स्टेट्स इकोनॉमिक फोरम पोर्टलाचें उक्तावण करतली. नीती आयोगान नॅशनल काउन्सिल ऑफ ॲप्लायड इकोनॉमिक रिसर्च (एनसीएईआर) हांच्या सहकार्यान हें पोर्टल तयार केलां जें 1990-91 ते 2022-23 मेरेन सुमार 30 वर्सां खातीर समाजीक, अर्थीक आनी राजकोषीय मापदंडां वेलो डेटा, संशोधन अहवाल, पेपर आनी तज्ञांच्या टिप्पणींचो एक व्यापक संग्रह आसा. ह्या पोर्टलाचे चार मुखेल घटक आसात, राज्य अहवाल, डेटा भंडार, राज्य अर्थीक आनी अर्थीक डॅशबोर्ड, आनी संशोधन आनी टिप्पणी.

हें पोर्टल स्थूल, अर्थीक, लोकसंख्याशास्त्रीय आनी समाजीक-आर्थीक प्रवृत्ती समजून घेवपाक सुलभ करतलें, सहज उपलब्ध डेटा आनी वापरप्यांक सोंपें अशें स्वरूप दितलें, आनी तशेंच एकत्रीत क्षेत्रीय डेटाची चालू गरज एकाच सुवातेर पुराय करतले.

Patel 100

आयुष्मान भारत येवजणे खाला आतां मेरेन 15 कोटी बायलांची स्तनाच्या कॅन्सराची तपासणी जाल्या अशें केंद्रीय भलायकी राज्यमंत्री अनुप्रिया पटेल हांणी सांगलें.ब्रेस्ट इमेजिंग सोसायटी ऑफ इंडियान नवी दिल्लींत आयोजीत केल्ल्या मिडटर्म बिसीकॉन-2025 सुवाळ्यांत उलयतना तिणें सांगलें, देशभरांत 200 डेकेअर कर्करोग केंद्रां स्थापन करतली. निरोगी जिणे पद्दत, जागृताय, वेळार तपासणी आनी उपचार जाल्यार स्तनाच्या कॅन्सराक लागून मरण येवपाचें प्रमाण उणें जावंक शकता हाचेर भर दिलो. जागृताय नाशिल्ल्यान ह्या दुयेंसांच्या दुयेंतींची संख्या वाडत आसा. ह्या दुयेंसाक आडावपा खातीर सरकार चिंतित आनी गंभीर आसा अशें तिणें सांगलें. दर वर्सा भारतांत 14 लाख नवे कॅन्सराचे दुयेंती सांपडटात, तातूंत सुमार दोन लाख स्तनाच्या कॅन्सराचे दुयेंती आसात.

स्पोर्ट्स 50

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमार मुंबय इंडियन्सान कोलकाता नाइट रायडर्साक 8 विकेटींनी हारयले. मुंबयन इंडियन्सान 12.5 षटकांत 117 धांवड्यांचें लक्ष्य सहजपणान साध्य केलें आनी फक्त दोन विकेटी वगडावन 121 धांवड्यो केल्यो. मुंबयचो सलामीवीर रायन रिकलटनान एकेचाळीस चेंडूत नाबाद बासशठ धांवड्यो केल्यो जाल्यार सूर्यकुमार यादवान सत्तावीस धांवड्यो काडल्यो.

हीरो आशिया 85

बिहारांतल्या राजगीरांत अंदू ऑगस्टांत हीरो आशिया कप हॉकी 2025 चे आयोजन करतले. हॉकी इंडिया आनी बिहार राज्य खेळां प्राधिकरणान पाटणांत हे संबंदी

समजीकायेच्या कबलाती चेर सय केली. ही सर्त 29 ऑगस्ट ते 7 सप्टेंबर मेरेन नव्यान विकसीत केल्ल्या राजगीर हॉकी स्टेडियमांत जातली. फाटल्या वर्सा नोव्हेंबरांत भारतान जिखील्ल्या बायलां आशियाई चॅम्पियन्स ट्रॉफी उपरांत राजगीरांत जावपी ही दुसरी आंतरराष्ट्रीय खेळां सर्त आसतली.

हीरो आशिया कपाचे 12वे आवृत्तींत भारत, पाकिस्तान, जपान, कोरिया, चीन, मलेशिया सयत 8 पंगड वांटो घेतले. उरिल्ले दोन पंगड पात्रताय सर्तींतल्यान म्हणल्यार AHF कप सरतीतल्यान आपली सुवात थारायतले.

हवामान 160

भारतीय हवामान खात्यान आयज सौराष्ट्र आनी कच्छांतल्या कांय सुवातींनी उश्णताय ल्हारयेतली असो अदमास काडला. आसाम, मेघालय, त्रिपुरा आनी गुजरात कांय वाठारांनी उश्ण आनी दमट हवामान आसतले.. मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा, उत्तर अंतर्गत कर्नाटक, मध्य प्रदेश, विदर्भ, छत्तीसगड, कोंकण आनी गोंय, तेलंगणा, केरळ आनी दर्यादेग कर्नाटकांतल्या कांय सुवातींनी गडगड आनी गारांची वादळाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण फाल्यां मेरेन वायव्य भारतांत चडांत चड तापमान 2 ते 4 डिग्री सेल्सियस ल्हव ल्हव वाडपाची शक्यताय आसा. चडांत चड तापमान 36 अंश सेल्सियस सुमाराक उरपाची शक्यताय आसा जाल्यार उण्यांत उणें तापमान 16 अंश सेल्सियस सुमाराक उरपाची शक्यताय आसा. अंदूं एप्रिल ते जून मेरेन देशांतल्या चडशा वाठारांनी सरासरी परस चड तापमान आसतलें असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान दिला. ह्या काळांत चडशा प्रदेशांनीय उण्यांत उणें तापमान सरासरी परस चड उरतलें अशें आयएमडीचे सरसंचालक मृत्युंजय महापात्रा हांणी सांगलें. उत्तर आनी उदेंत भारत, मध्य भारत आनी वायव्य भारतांतल्या चडशा वाठारांनी एप्रिल ते जून ह्या काळांत सामान्या परस दोन ते चार दीस चड उश्णताय ल्हारां येवपाची शक्यताय आसा अशें तांणी सांगलें.

आनी इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरा पत्र तुमय आयकुक मेळतले सांजेच्या 6.30 नमस्कार